# **बी. टॅक कृशी अभियांत्रिकी प्रवेशा खातीर अर्ज मागयल्यात**

ता. 1 जुलय 2025

कृशी संचालनालयान महाराष्ट्र राज्यांतल्या दापोली रत्नागिरी हांगाच्या डॉ. बाळासाहेब सावंत कोंकण कृशी विद्यापिठात बी. टॅक कृशी अभियांत्रिकी अभ्यासक्रमाक प्रवेश घेवपा खातीर पात्र विद्यार्थ्यां कडल्यान अर्ज मागयल्यात.

गोंय सरकाराच्या कृशी संचालनालयान कोंकण कृशी विद्यापिठा कडेन केल्ल्या समजीकाय कबलाती प्रमाण बी. टॅक कृशी अभियांत्रिकी अभ्यासक्रमा खातीर दर वर्सा गोंयच्या दोन विद्यार्थ्यांक पुरस्कृत करतात.

इत्सुक विद्यार्थ्यांनी कृशी संचालनालय, कृशी भवन, टोंक करंजाळे हांगा अर्ज करपाक जाय. बी. टॅक कृशी अभियांत्रिकी अभ्यासक्रमा खातीर जेईई मेन निकालाचेर विद्यार्थ्यांची निवड जातली.

विहित नमुन्यातले अर्ज कृशी संचालनालय, कृशी भवन, टोंक करंजाळे हांगा उपलब्ध आसात वा कृशी संचालनालयाच्या www.agri.goa.gov.in ह्या वेबसायटी वयल्यान डावनलोड करून घेवपाक शकतात. पुराय भरिल्ले अर्ज स्विकारपाची निमाणी तारीख 8 जुलय 2025 आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/569

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.